राजश्री कामत  राष्ट्रीय खबरो

१४.०२.२०२६ @ 6.30 PM

राधाकृष्णन 80

उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन आणि प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी आज २०१९ च्या पुलवामा दहशतवादी हल्ल्यात आपले प्राण अर्पण करपी शूर जवानाक श्रद्धांजली ओपली. एका सोशल मीडिया पोस्टात उपराष्ट्रपतीनी म्हणले की, सुरक्षा कर्मचाऱ्यांचे सर्वोच्च बलिदान देशाच्या यादीत कायमचे कोरतले.तांचे बलिदान प्रत्येक नागरिकाक एक मजबूत आणि सुरक्षित भारत निर्माण करपाक करपाक प्रेरणा दिता दुसऱ्या एका सोशल मीडिया पोस्टात प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी म्हणाले की, जवानांची देशाप्रती आस लेले समर्पण, संकल्प आणि सेवा नागरिकांच्या सामूहिक चेतनेत कायमचे कोरतले प्रत्येक भारतीय त्यांच्या धैर्यात त्यान शक्ती मेळयता हाचेरूय ताणी भर दिला.

MODI 90

मंत्री प्रधान नरेंद्र मोदीनी आज आसाममधील दिब्रुगड जिल्ह्यात राष्ट्रीय महामार्गाकडच्या विकसित केल्या मोरन बायपासावेल्या आपत्कालीन लँडिंग सुविधेचे उक्तावण केले. आसामच्या एक दिसाच्या दौऱ्यावर आशिल्ले प्रधान मंत्री आज सकाळी आपत्कालीन लँडिंग सुविधेचेर उतरले. ताणीभारतीय हवाई दलाच्या सुखोई एसयू-३०एमकेआय, राफेल, एएन-३१, तेजस आणि ॲडव्हान्स लाईट हेलिकॉप्टर सारकी लढाऊ विमाना, येरादारी विमाना आणि हेलिकॉप्टरचे हवाई प्रदर्शनय पळयले. भारताची अर्थवेवस्या '११व्या स्थाना वेल्यान तिसऱ्या स्थानार पावल्या हेविशी प्रधानमत्री उलयले

शहा 110

सरकार माहिती तंत्रज्ञान, डेटा सेंटर्स आणि आर्टिफिशियल इंटेलिजेंस यासारख्या उदेत्या क्षेत्रांत पुद्दुचेरीतील तरणात्यां खातीर रोजगाराच्यो संधी निर्माण करपाचेर लक्ष केंद्रित करता अशे करैकल हांगा एका जाहीर सभेत उलयताना  केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हाणी सांगले. आंतरराष्ट्रीय वेपार संबंदांतल्यान नुस्तेमारांक जागतीक बाजारपेठेंत प्रवेश मेळोवपा खातीर पावलां उबारतात, जाका लागून तांच्या उत्पादनांक बरो परतावो मेळटलो. झोहो सयत मुखेल सॉफ्टवेअर कंपनींनी पुडुचेरींत काम सुरू केल्ल्याचो उल्लेख तांणी केलो . तशेंच लॅपटॉप तयार करपाचो युनिट स्थापन केला, जो आपलीं उत्पादनां वेगवेगळ्या देशांनी निर्यात करपाची येवजण करता अशेंय तांणी सांगलें. केंद्रीय प्रदेशांत बंद जाल्लीं कापड गिरणीं परतून सुरू करपा खातीर अर्थीक मजत मेळ्ळ्या अशें शाह हांणी फुडें सांगलें.  BYTE

गोयल 100

केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हाणी केंद्रीय अर्थसंकल्प 2026-27 ची तोखणाय केली आनी 2047 मेरेन 'विक्सित भारत' तयार करपाची ही एक घटमूट बुन्याद आसा अशें सांगलें.मुंबयंतल्या प्रसार माध्यमां कडेन 2026-27 वर्साच्या अर्थसंकल्पाचेर चर्चा करपा खातीर पत्रकार परिशदेंत उलयतना गोयल हाणी  अर्थीक वाड, मुळाव्या साधनसुविधांचो विस्तार आनी सगळ्या नागरिकां खातीर समावेशक उदरगतीचेर आदारिल्लो एक नकासो अशें वर्णन केलें.

वैष्णव  50

फुडल्या 3 वर्सांत रेल्वे 124 मल्टीमोडल कार्गो टर्मिनल तयार करतले अशें केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें. नवी दिल्लींत रेल्वे सुदारणा-2026 विशीं पत्रकार परिशदेंत उलयतना मंत्री वैष्णव हांणी सांगलें,कि  रेल्वे प्रवाशांचे स्वच्छ आनी

नितळसाण प्रवास अणभवाक प्राधान्य दितले. तशेंच सिध्द ट्रॅक रेकॉर्ड आशिल्ल्या मुखेल सेवा पुरवणदारांकद्वे संपर्क करतले अशें तांणी सांगलें.BYTE

SPORTS 50

2026 वर्सा अबू धाबी ओपन मास्टर्स खेळांत भारतीय खेळगड्यांनी दादल्यांच्या हॅमर थ्रोत बळिश्ट कामगिरी केली. किशोर कुमार चंडीरा मोगान 30+ पिरायेच्या गटांत भांगरा पदक आनी मोहम्मद अंसार हाणे  कांस्य पदक जिखलें. किशोर कुमारान 37.92 मीटर जैतिवंत फेक करून क्रमवारींत पयलें सुवात मेळयली जाल्यार अंसार हाने काल आंतरराष्ट्रीय व्हेटरन्स एथलेटिक्स चॅम्पियनशिपांत तिसरो क्रमांक मेळयलो.

WEATHER  50

भारतिय हवामान खात्यान आयज हिमाचल प्रदेशांत दाट धुकें पडटलें असो अदमास काडला. फाल्यां मेरेन अरुणाचल प्रदेशांत वीजे सयत गडगडपाची शक्यताय आसा.